काणकोण आनी वास्को हांगा राष्ट्र का उर्जा मंत्र-वंदे मातरम" हिंदी महानाट्याचे आयोजन

ता. 30 ऑक्टोबर 2026

भारताचे राष्ट्रीय गीत 'वंदे मातरम'च्या 150 व्या वर्साच्या इतिहासीक घडणुकेच्या उगडासाक कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन 1 ते 7 नोव्हेंबर 2026 मेरेन 'राष्ट्र का ऊर्जा मंत्र-वंदे मातरम' महानाट्याचे आयोजन केला. महानाट्याचे सादरीकरण काणकोण आनी वास्कोच्या रविंद्र भवनात जातले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे 2 नोव्हेंबर 2026 दिसा सांजेच्या 3.00 वराचेर काणकोणच्या रवींद्र भवनात जावपी कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण उपस्थित रावतले. कला आनी संस्कृती मंत्री डॉ. रमेश तवडकर, कला आनी संस्कृती सचीव आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

वास्कोच्या रवींद्र भवनात 4 नोव्हेंबराक सांजेच्या 3.00 वराचेर आयोजीत कार्यक्रमाक येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो, आमदार दाजी साळकार, संकल्प आमोणकार आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

ह्या महानाट्यात गोंय भरांतल्या विविध शाळांच्या 700 विद्यार्थ्यांचो सहभाग आसा. तरणाट्या पिळगेमदी राष्ट्रीय ऐक्य, देशभक्ती आनी आपल्या स्वातंत्र्य लढ्याचो समृद्ध इतिहासीक मूल्यांची रुजवण करपा हो ह्या कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.

वंदे मातरम हे इतिहासीक दिश्टीन राष्ट्रीय जागृतायेचे एक शक्तिशाली गीत आनी भारताच्या स्वातंत्र्य चळवळीतले एक प्रेरणा शक्ती आसा. ह्या हिंदी महानाट्याच्या माध्यमातल्यान प्रेरणादायी इतिहास, स्वातंत्र्यसैनिकांचे बलिदान आनी देशभक्तीची भावना जागी करपाचो प्रयत्न आसा. कला आनी संस्कृती संचालनालय सगलें कलामोगी, शिक्षक, पालक आनी गोंयच्या नागरिकांनी व्हडा संख्येने ह्या कार्यक्रमांक उपस्थित रावन विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहन दिवपाचो उलो मारला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/681

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.